**उपमुख्यमंत्र्या हस्तुकीं मडगांवां रवींद्र भवनांत पोर्ट्रेट प्रदर्शनाचें उक्तावण**

ता. 25 नोव्हेंबर 2021

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी आयज मडगांवच्या रवींद्र भवनांत म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या पोर्ट्रेट-फोटो प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें.

आदले आमदार आनी रवींद्र भवन, मडगांवचे अध्यक्ष श्री. दामोदर नाईक, रवींद्र भवनाच्यो वांगडी सचीव श्रीमती संध्या कामत, पालवी म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकार, चित्रकार श्री. वसंत नगर्सेकर आनी हेर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री. कवळेकर हांणी गोंयच्या नवीन पिळगेंक आनी खास करून विद्यार्थ्यांक स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांनी गोंय मुक्ती चळवळीखातीर दिल्ल्या योगदानाची म्हायती जावपा खातीर अशां प्रदर्शनांचे आयोजन करपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून, विद्यार्थ्यांनी आनी लोकांनी ह्या प्रदर्शनाचो लाव घेवचो, अशें ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

मडगांवच्या रवींद्र भवनात हे प्रदर्शन लोकांखातीर 30 नोव्हेंबर 2021 मेरेन उकते आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/990

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji